आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवी

Date : 27/06/2025 6.30 PM

110

देशाचे टिकावू अर्थीक उदरगती खातीर घटमूट एमएसएमई म्हळ्यार सूक्ष्म, लघु आनी मध्यम उद्देग पर्यावरण प्रणाली गरजेची आसा अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत आंतरराष्ट्रीय एमएसएमई दिसाचे कार्यावळीक त्यो उलेताल्य. देशाचे उदरगतीत एमएसएमईची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें ताणी सांगलें. एमएसएमईन गांवगिऱ्या आनी मागास वाठारांनी रोजगाराची संद निर्माण जाता ,शेतवडी उपरांत एमएसएमई क्षेत्र देशांत दुसरो व्हडलो रोजगार निर्माण करपी क्षेत्र आसा अशें राष्ट्राध्यक्ष मुर्मू हांणी म्हळा . सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग हे भारतीय आनी संवसारीक अर्थवेवस्थेचे फाटीचो कणो. संवसारभर एमएसएमई क्षेत्राची म्हत्वाची भुमिका मान्य करून संयुक्त राष्ट्रांनी 27 जून दिसा 2017 वर्सा आंतरराष्ट्रीय एमएसएमई दीस म्हूण जाहीर केलो.अंदूच्या एमएसएमई दिसाचो विशय आसा टिकावू उदरगत आनी नवनिर्माणाचे चालक म्हूण एमएसएमईची भुमिका वाडोवप.

120

चीनांतल्या किंगदाओत आयज जाल्ले एससीओ संरक्षण मंत्र्यांचे बसकेत संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी चीनाचे संरक्षण मंत्री एडमिरल डोंग जून वांगड द्विपक्षीय उलोवणी केली. भारतान सदांच दोनूय देशां मदलो विस्वास परतून निर्माण करपा खातीर परस्पर मतभेद उणे करून शिम वाद सोडोवपा खातीर सासणाचो उपाय सोदपाचेर लक्ष केंद्रीत केलां अशे सांगले . हे बसकेंत सिंग हाणी भारत-चीन शिमेचेर शांतताय आनी समरसताय दवरपाच्या गरजेचेर भर दिलो.तशेच तांक पहलगाम हल्लो आनी ऑपरेशन सिंदूर हांचे विशीं म्हायती दिली.

मजगती संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी रशियेचो संरक्षण मंत्री आंद्रेई बेलोसोव वांगडय द्विपक्षीय बसका घेतली. एस-400 संरक्षण प्रणाली, एसयू-30 एमकेआय झुजारी विमानांचें आधुनिकीकरण आनी गरजेच्या लश्करी उपकरणांची बेगीन पुरवण अश्या साबर प्रस्नांचेर

बसकेंत खोलायेन चर्चा जाली. तशेच आंतरराश्ट्रीय वेव्हार, शिमपलतडचो  आतंकवाद आनी भारत-रशिया संरक्षण सहकार्याचेर चर्चा जाली.

35

देशाची आनी समाजाची मनोबल कमी करपाहेतान 1975 वर्सा आणीबाणी घाल्ली अशें विदेश मंत्री डॉ. स जयशकर हाणी म्हळा .  आणीबाणीचीं 50 वर्सां मनवपा खातीर नवी दिल्लींत जाल्ल्या कार्यावळींत उलायताना तांणी सांगलें( bytes 22.30 SEC)

60

ओडिशांतल्या पुरी शारांत आयज सवान भगवान जगन्नाथ आनी ताचे भाव बलभद्र आनी भयण सुभद्र हांची संवसारीक नामनेची रथयात्रा व्हड उमेदीन सुरू जाली. हे खातीर संवसारभरांतले हजारांनी भक्त पुरींत पावल्यात. ही रथयात्रा तीनूय देवांक श्री गुंडीचा देवळाकडे णव दीसाखातीर व्हरता. रथयात्राच्या निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सगल्या नागरिकांक परबीं दिल्यांत. राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू हाणी रथयात्र निमतान सांगले (bytes 22.30 sec)

55

महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी आयज पुण्यांत बालासाहेब ठाकरे कृशी वेवसाय आनी ग्रामीण परिवर्तन प्रकल्पा खाला समर्पीत हेजिंग डेस्काचें उक्तावण केलें. हो उपक्रम शेतकी क्षेत्राच्या आधुनिकीकरणाचे दिकेन व्हड पावल आसा आनी शेतकारांक तांच्या पिकांक फायद्याचे दर मेळोवपाक मजत जातली अशे ताणी म्हळा .

25

चीनांत जाल्ले शांघाय सहकार संघटनेचे संरक्षण मंत्री बसकेच्या संयुक्त दस्तावेजाचेर भारतान सयो करूंक ना अशें विदेश मंत्री डॉ.एस जयशंकर  हांणी नवी दिल्लींत पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें. TAणी मुखार सांगले की bytes 25 sec

35

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांचे येजमानकेखाला आयज नवी दिल्लींत भौशीक मळावेल्या बँकांच्या कामगिरीविशी  नियाळ बसका जाली. हे बसकेंत अर्थ राज्यमंत्री पंकज चौधरी, अर्थीक सेवा खात्याचे सचीव एम.नागराजू आनी भौशीक क्षेत्रांतल्या बँकांचे वेवस्थापकीय संचालक आनी सीईओ हाजीर आशिल्ले.

फुडल्या 2 ते 3 दिसांत नैऋत्य मौसमी पावस पुराय देशांत पावतलो असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला. आयज सौराष्ट्र आनी कच्छांत वादळी पावस तशेच देशाच्या अस्तंत भागांत व्हड पावस पडपाचो अदमास खात्यान उक्तायला.

सेवा दळान रोहतकांत जाल्ल्या 17 वर्सां सकयल्या चले आनी चलयांचे कनिश्ट गटात राष्ट्रीय बॉक्सिंग सर्तीचे वस्तादपण  जिखले.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर